छुम् छुम् घुंगरी

पुंडलीक नायक

छुम् छुम् घुंगरी

(भुरग्यांखातीर कविता आनी गीतां)

पुंडलीक नारायण नायक

अपुरबाय प्रकाशन

छुम् छुम् घुंगरी

भुरग्यांखातीर कविता आनी गीतां

Chhum Chhum Ghungari

Songs and poems for Children

by Pundalik Narayan Naik

प्रकाशन क्र. 71

© हेमा नायक

पयली आवृत्ती :
2005

दुसरी उजवाडावणी :
2007

छापणावळ :
हिरू नारायण नायक
रूतू ऑफसेट, वळवय गोंय

अक्षर जुळणी :
ज्योती गांवकार

मुखचित्र आनी भितरलीं चित्रां :
हेमंत कांसार

प्रकाशक
हेमा नायक,
अपुरबाय प्रकाशन.
वळवय, फोंडे गोंय.
403401,

मोल : रू. 35/-



माणकुल्या
श्रीजाक

- दादा

मांडावळ

कविता

1.	कोण बसला कित्याचेर?	1
2.	कितें करूंया?	2
3.	मोगरीं	3
4.	आनीक कोण?	4
5.	आमचीं जनावरां	6
6.	फळांचे वाटे	7
7.	प्रश्न	8
8.	राजाची धजा	10
9.	फुलां आनी फुलां	12
10.	पावस भिलो सत्रेक	13
11.	आमची आजी	14
12.	बाळाचो बोवाळ	15
13.	सवणी भुर्गी	16
14.	अनेक	17
15.	दर्याचे वेळेर	18
16.	हुंदीर चंद्रार वता	20
17.	पावस	22
18.	सगळे एक	23
19.	बदल	24
20.	व्यंकटुली संतत	26
21.	कोणाचो कोण	27
22.	तें घर	28

गीतां

23.	येयात भुरग्यांनो येयात	29
24.	आळशांक वाग खातलो	30
25.	हॅपी बर्थडे	31
26.	जमला आमचो मेल	32
27.	कावळोकाका धाकटुलो	34
28.	मामा घरा पाय	36
29.	छुम् छुम् घुंगरी	38
30.	भं भं भोले	40

1.
कोण बसला कित्याचेर?

शंकर बसला नंदीचेर
आनी विष्णू गरूडाचेर

साळकांत बसल्या लक्ष्मी ती
मोरार बसल्या सरस्वती

रेड्यार बसला यमराजा
आनी हुंदरार गणराजा

2.

कितें करूंया?



हीं झाडार फुल्ल्यांत फुलां!
आमी तीं खुटुंया

हीं फुलांर नाचता पिसोळीं!
तांच्या वांगडा खेळुंया

हीं तळ्यांत पेंवता नुस्तीं!
तांकां आमी धरूंया

हो मळार व्हांवता वारो!
ताच्या वांगडा धांवुया

हीं मळबांत लिकलिकतात नखेत्रां!
तांचें कितें करूंया?

3.
मोगरीं

अख्खी मोगरी फुल्ली पोरसांत
हांवे म्हणलें, ‘हांव माळपी माथ्यांत.’

मम्मान विणल्यो फांतयो धा
हांवे म्हणलें, ‘वा! वा! वा!’

हांवेंच माळ्ळ्यो सगळ्यो फांतयो
दिसभर नाचलें वाजोवन ताळयो

फुलांचो भार जालो चड
माथें म्हजें जालें जड

मान म्हजी आयली म्होडून
हांव लागलें गळागळा रडूंक

मम्मान म्हणलें, ‘तुकां फुलांचो सोस!
रडशी जाल्यार खबरदार!
तोंड धांपून बस.’

4.

आर्नीक कोण !

डरांव डरांव रडटा कोण?
बेबो! आनीक कोण?

भूक् भूक् करता कोण?
सुणो! आनीक कोण!

कुहू कुहू गायता कोण?
कोगूळ! आनीक कोण!

म्यांव म्यांव करता कोण?
माजर! आनीक कोण!

कांव कांव रडटा कोण?
कावळो! आनीक कोण!

हामा हामा हांबेता कोण?
गाय! आनीक कोण!

क्लक् क्लक् करता कोण?
कोंबडी! आनीक कोण!

वयंक वयंक रडटा कोण?
म्हस! आनीक कोण?

5.
आमचीं जनावरां



एक आसलो पाडो
सद्दां ओडी गाडो

एक आसलो रेडो
कॉणांत पड

एक आसली गाय
हरवें तण खाय

एक आसली म्हस
उदकांत घाली धोस

एक आसलो बोकडो
शिंगांनी वांकडो



एक आसली बोकडी
दुर्गार चड रोकडी

एक आसलें पाडूक
सद्दां वयतालें हेडूंक

एक आसलें रेडूक
शेंपडेन लांडूक

6.
फळांचे वांटे

पोपायेची पोपाय
ती तासून खातली विठाय

जामाचे जाम
ते चाबडायतलो दामूमाम

तोरंगीचें तोरींग
तें सोलून खातलो दुमींग

पेरीचीं पेरां
तीं वांटून घेतलीं वाड्यावयलीं पोरां

चिकूचे चिकू
ते दवरल्या विकूंक

पणसाचो पणस
ताचें तुमी करून खायात धोणस

आंब्याचो आंबो मात कोणांक दिवपाक नाका
तो अख्खो जाय म्हाका



7.
प्रश्न

कांव कांव कावळो
तो काळो काय सावळो?

कुहू कुहू कोगूळ
तिका कसलें खूळ?

म्यांव म्यांव माजर
ताची कित्याचेर नदर?

हाम्मा हाम्मा गाय
ती पाडकाक कित्याक जाय?

डरांव डरांव बेबो
ताच्या आंगाक कित्याक रेबो?

कों कोंच को कोंबो
तो कोणा कुशीक उबो?

भूक भूक सुणो
तो पिसो काय शाणो?

रेंक रेंक म्हस
तिका कित्याचो सोस?

चिंव चिंव चिमणी
तिचीं सोयरीं शेवणीं?

वयंक् वयंक् धुकोर
ताचेर मारूं नाका फांतर

होंव् होंव् गाडूं
म्हणूं नाका, ताचें पाडा पडूं!



8.
राजाची धजा

शींव राजाचो राजा
रानांतलीं जनावरां ताची प्रजा
एकदां शिंवान मनयलो रानाचो दीस
कोणांक भेटयलो तुरो, कोणांक मोरा-पीस
कोणांक फुलांच्यो माळो, कोणांक आंब्या-ताळो

मुयेचो मात केलो ना भौमान
तिका लेखली कस्पटा समान
मुयेक आयलो खूब खूब राग
तिणें रोखड्या रोखडो शिंवाक विचाल्लो जबाब



शिंवान म्हणलें गर्वान,
‘तूं किरकोळ मूय, हांव तुकां लेखिना.’
मूय रागान तापली
शिंवाक म्हणूंक लागली,
‘कसलो तूं राजा?
सगळ्यां हुजरां तुजी वडोवं धजा?’

व्हडल्यान आड्डून म्हणलें मुयेन,
‘हांव उलयतां तें आयकुचें राजाचे प्रजेन.
हांव जरी किरकोळ मूय
तरी म्हजें घर हांवूच बांदतां
हो शींव, राजा तरी
भाड्याचे धोलींत रावता.’

9.

फुलां आनी फुलां

मोगऱ्यान माळल्या
शेंवत्याची फांती

शेंवत्यान माळल्या
मोगऱ्यांची आटी

सुरंगान माळला
झेलो आबोल्यांचो

आबोल्यान माळला
वळेसर सुरंगांचो

10.

पावस भिलो सत्रेक



पावड पडलो आंगणांत
टपा टपा...

बाय देंवलें सोपणां
झपा झपा...

बायन फुलयली सत्री
सपा सपा...

घुंवडायली गोलगोल
गरा गरा...

पावस भिलो काळजांत
गडा गडा...

हुबून गेलो वयले वयर
भरा भरा...

11.
आमची आजी

आमची आजी
म्हाका शिनूंक लायता भाजी.
आपल्या माथ्यांत हात खरपीत म्हणटा कशी,
'बाय म्हजें शा ऽऽ णें, ऊव मार मातशी!'
आपूण घेता हांडीर कळसो आनी कळशी
म्हजे कडेन तांबयो दिवन म्हणटा,
'आपटून मात फोडशी!'
आपूण करता घरांतलो वावर
म्हाका सांगता,
'भायर बसू ऽ ऽ न राव!'
सांजच्या आदेसाक शेजाऱ्नीगेर बसता
म्हाका मात म्हणटा,
'जाय थंय हेडटा!'
रातचे आपणाले पांय रगडूंक लायता
नेटान ओडल्यार म्हणटा,
'नाखटां कितें तोपता!'
दिसरात आजयेचीं कामां नस्तीं
करीना जाल्यार म्हणटा,
'मस्ती मारली मस्ती!'

12.
बाळाचो बोवाळ

हो सुण्याचो पेटो
हांगा थंय धांवता
दिसता गोमटो!

हें कोंबयेचें पील
हांगा थंय लिपूंक
सोदता झील!

हें म्हशीचें रेडूक
हांगा थंय धांवता
सामकें शिटूक!

हें गायचें पाडूक
हांगा थंय धांवता
सामकें शिटूक!

हें मनशाचें बाळ
एकाच जाग्यार
रडून घालता बोवाळ!

13.
सवर्णी भुर्रा ऽऽ

सवणीं बसलीं वाऱ्याचे फाटीर
सवणीं न्हालीं दर्याचे भाटीर

झाडाचे तेंगशेर सवण्यांचे धोल
साखरेचे गोडयेचे सवण्यांचे बोल

सवण्यांनी चोखलीं रोसाळ फळां
बियो दिल्यो मोखून
किल्लोवपाक मळार

आयलीं सवणीं गेलीं भुर्र करून रानांत
फाल्यां येतलीं म्हणून
सांगून गेलीं कानांत

14.
अनेक

बैलांची जोडी शेतांत
पनेळांचो सांगोड दर्यांत

भाताची रास खळ्यांत
फुलांचे गोंडे मळ्यांत

गोरवांचे हींड मळार
बायलांचो जोमो नळार

लाकडांचो भोरो माथ्यार
चावयांचो घोस कमरार

15.
दर्याचे वेळेर

दर्याचीं ल्हारां .
हातरांचे कवळे
धडेर फुट्टकीच
फेंसाचे मळे

वेळे वयलीं पावलां
आंगणांतली रांगोळी
ल्हारांच्या उदकार
उडून गेल्लीं पिसोळीं



रेंवेचेर भुरग्यांचें
कुल्ल्यांवरी धांवप
खर्शेवन जातकीच
आवय कुशीक रावप

दर्यावयलीं तारवां
पांय रोमून उबीं
कान फांकारून केन्नाय
जशी उबी रावता कोंबी

तिनसांजचो सुर्या
दर्यांत गळटा
रेंवेंतलीं पावलां
आपल्या घरा वळटा



16.
हुंदीर चंद्रार वता

हुंदीरमामान एकदां पेपर वाचलो
मनीस खंय चंद्रार पावलो

मनशान व्हडलो जोडला मान
हुंदीरमामाक भोगलें मोटें कमीपण

तकली फातराक घांसून घांसून
बुद्द लडयली बिळांत बसून

दिवाळेचे दीस आसले
बाण गरंजेल सुरसुरताले

हुंदीरमामान पसऱ्यार सावन
चोरून हाडलो एक बाण

आपली कल्पना सवंगड्यांक सांगली
तांकां ती रोखडीच पसंत पडली

बाण बांदलो हुंदीरमामाचे फाटीचेर

एकल्यान कोलती लायली वातीचेर

बाण लागलो सुरसुरूंक
हुंदीर लागले ताळयो मारूंक

फुस्स जालो बाण उडलो
घराच्या पाश्टार पडून शेळेलो

पाश्टार बशिल्ली बिलुमावशी
दोन दिसांची उपाशी

'पाव रे चंद्रा!' हुंदीर रडटा
चंद्रवीराक बिलुमावशी म्हणटा,

'हांव हांगां उपाशीं पुता,
'म्हाका फटोवन चंद्रार वता?'

17.
पावस

पावस अंदरता दिकांनी
काळखी फांकता दिसांनी

पावस जोगलता कुपांनी
वीज हांसता मिश्यांनी

पावस झिडपता दडकांनी
सुकणीं कडसता रूखांनी

पावस निस्तता पावळ्यांनी
झुंबरां जशीं देवळांनी

पावस थेंबेता माडांनी
थेंब थेंब गळटा लाडानी

18.
सगळे एक

अनील हिंदू – तो गेलो देवळांत
आंतोन ख्रिस्तांव – तो गेलो इगर्जेंत
सलमान मुस्लीम – तो गेलो मशिदींत

थंय वचून तांणीं केली प्रार्थना
आनी देवाचीं गायनां

भायर येवन सगळे एकामेकांक मेळ्ळे
एकठांय येवन खेळ्ळे

तांणीं म्हळें – आमचे धर्म अनेक
पूण आमी सगळे एक!

19.

बदल

कापोडयांनी विणलीं जाळां
जशीं विणलेलीं
तांगेल्या पुर्वजांनी
जळामळा



मुसांनी घडयलीं म्होवाचीं पोळीं
जशीं घडयलेलीं
तांगेल्या जाणटेल्यांनी
एके काळीं

मुयांनी उबारल्यो मातयेच्यो रोयणी
जश्यो उबारलेल्यो
तांगेल्या पणज्या-शेणज्यांनी
रानां कणकणी



शेवण्यांनी बांदले घोंटेर
जशे बांदलेले,
तांगेल्या आज्या-पणज्यांनी
झाडांचे तेंगशेर

हुंदरांनी खणलीं बिळां
जशीं खणलेलीं
तांगेल्या आवय-बापायनी
माती लावन दाळाक

मनशांनी बांदलीं घरां
न्हय आदल्या सारखीं
विविध तांचीं रूपां
आनी वेगळ्यो तरा



सवणीं, सावजां किडी-मुयो
तांच्यांत कुस्कूट बदल ना
बदला बगर मनशाचें
पावल फुडें पडना

20.
व्यंकटुली संतत

हो जाणटेलो व्यंकटू
तागेल्या पुताचें नांव धाकटू

धाकटुलो पूत, सांतू
तो व्यंकटुलो नातू

सांतुलो पूत, गोटू
तो व्यंकटुलो पणटू

गोटूलो पूत, लोटू
तो व्यंकटुलो शेणटू

लोटूचो बापूय गोटू
लोटूचो आजो सांतू
लोटूचो पणजो धाकटू
लोटूचो शेणजो व्यंकटू



21.
कोणाचो कोण

म्हज्या बापायचो भाव, तो म्हजो काका
रावता वार्का

म्हज्या बापायची भयण, तें म्हजें आतें
ताच्या गांवाचें नांव वांतें

म्हजे आवयचो भाव, तो म्हजो मामा
तो आसता रिवणा

म्हजे आवयची भयण, ती म्हजी मावशी
ती रावता आगशी

म्हज्या बापायचो बापूय, तो म्हजो आजो
ताच्यान आतां भोंवपाक नजो

22.
तें घर

त्या घराचे वाटेर चिक् चिक् रेबो
रेब्यांत आसता पिक् पिक् बेबो!

त्या घरासामकार एक आसा तळें
उदक सायबा काळें काळें काळें!

त्या घराकुशीक एक आसा माड
ताका सुक्या चुट्टांचें खाड!

त्या घराशेजरा व्हडली· आसा बाग
बागेंत आसता बिबटो वाग!

त्या घराफाटल्यान एक आसा पणस
पणसाचे धोलींत रडत आसता घोणस!

त्या घराक आसात शंबर दारां
दारांत बसतात वानराचीं पोरां!

त्या घराभोंवतणी व्हडली आसा वंय
कोणाकूच जमना वचपाक जंय!

गीतां

23.
येयात भुरग्यांनो येयात

येयात भुरग्यांनो येयात, वडामुळांत ह्या खेळात
गळ्यांत गळो हातांत हात, दाव हांगासर मांडात

जाण्टीं नेण्टीं माणकुलीं, सगळीं हांगा जमतलीं
ल्हान-व्हड, बारीक-मोटीं, सगळें आतां विसरतलीं
वडारूखाच्या आंगाखांदार, भोवूंक सगळीं येयात

वड आजो जाण्टेलो, हिशोब सगळो मांडटलो
फाटल्या सगळ्या वर्सांचो, हिशोब सगळो खर्चाचो
वड सांगतलो नवी काणी, कान दिवन आयकयात

उंच उबार वडाचें, मळबाक तेंकलां माथें
पाळां सोडून आंगावेल्यान, भुंयचें सादलां नातें
नेण्टेपणाची याद अशी, जाण्टेपणांत धरात

24.
आळशांक वाग खातलो

चपळांचो जय जातलो
आळशांक वाग खातलो

फांतोड फुटली, शेवणीं उठलीं
गोरवां सुटलीं, चरवाक धांवलीं
भाग्यवंताच्या माथ्यार वयर
सुवर्ण–सुर्या फांकलो

उठ सभाग्या, तुज्याच भाग्या
काळ थांबचोना, तुकां रावचोना
खिणा खिणाची गुंथून माळा
फाल्यां अळंकार जातलो

न्हिदून रावशी, पडशी उपाशी
मागून खायशी, लजेन मरशी
घाम गळोवपी, काम मेळोवपी
सदांच सुखाक पावतलो



25.

हॅपी बर्थडे

नाचुंया गावंया हांसुया खेळुंया
सोबीत सुंदर तूं
हातांत हात गुंथुंया, तुजेखातीर म्हणुंया
हॅपी बर्थडे टू यू

तरातरांचीं विंगड फुलां, मधूर म्होवाळ वास
वाऱ्याबगर धोलता कशीं, कमरां बागोवन खास
शेंवतीं आबोलीं मोगरी चाफीं
बागेंत गुलाब तूं
हातांत हात गुंथुया, तुजेखातीर म्हणुंया
हॅपी बर्थडे टू यू

तुजेचखातीर मांडून आसा, कितली सावळी दाट
तुजेच खातीर घडून आसा, उजवाडाची वाट
चम्‌चम् तारे गिर्‌गिर् गिरे
मळबांत चंद्रीम तूं
हातांत हात गुंथुया, तुजेखातीर म्हणुंया
हॅपी बर्थडे टू यू

26.
जमला आमचो मेळ

जमला आमचो मेळ
आमी मांडला आतां खेळ
चार वंटीचें घ़र बांदूंक
कितलो आतां वेळ

मठी माणकुली जाली उबी
कडव्याक आतां बांदप कांबी
आंब्या-पानाचे गांवठी नळे
दाळूंक कितलो वेळ

कुडींत बसल्या रांदतली
वावराक गेल्या जोडकारी
खिणां खिणां गे दारार येवन
वाट तांची तेळ

रातीकातीची सोयरीं कोण
सांज उदेली वाट चुकून
बसूंक घातली शेंदरी ही
जमनींक आयल्या शेळ

आयचो खेळ घर बांदपाचो
फायचो खेळ घर वसोवपाचो
तोखेत जाण्टीं बसल्यां थंय
पांय सोडून पडवेर

27.
कावळोकाका धाकटुलो

कावळोकाका तळयेर
घुसूघुसू न्हालो
आंग पुसूंक ताचेकडेन
नासलो तुवालो

कावळोकाका धाकटुलो
सामको पिटकुलो
पयले खेपे तळयेर
न्हावपाक आयलेलो



कावळोकाका माणकुलो
शिंयांत कुडकुडलो
थंडी-बारकूण जायत म्हण
मनांमदें भिलो

कावळोकाका येवजितालो
कोणांक मारचो उलो?
धांवून येवपी मोगान
कोण आसतलो?

कावळ्याकाक्याक देखलो
सुर्यान, ओलो ओलो
भांगराच्या किर्णांचो
पुसूंक दिलो शेलो !

28.
मामा घरा पाय

दुदावेली साय म्हाका सांज–सकाळ जाय
मामा घरा पाय म्हाका मामा घरा पाय

मामा घरा दिसाभरा
आंब्यामुळां जमता पोरां
रंगता खेळ तरातरां
चानयेपोरां पाडटा तोरां
मिठाकण तोराफोड खावंक म्हाका जाय

पोरसांभितर मामीली
तांबडी तांबडी आबोलीं
तुऱ्यासकट खुंटचेलीं
बावले माथ्यांत माळचेलीं
बावलेचें लगीन म्हज्या बेगीन करूंक जाय

आज्याच्या सांगून कानांत
वतलीं आमी वयल्या रानांत
भरून दोण्यांत काण्णां-चुन्नां
येतलीं घरा तिनसना
याद येता आज्याची खबरेक वचूंक जाय

आजी म्हजी सांगता काणी
आसलीं दोगां राजा राणी
तकले पोंदा दिता मांडी
माथ्यांत घालता हाताफणी
उरलेली काणी म्हाका फुडें आयकूंक जाय



29.

छुम् छुम् घुंगरी

छुम् छुम् घुंगरी भिंग् भिंग् भिंगरी
एक दोन तीन चार पांच स सात
आदू गोदू शिरी गोल गोल गिरी
आख्खे मळणेक बीं ना भात

छोटू छोटू छोटुलो दुडू दुडू धांवलो
मोटू मोटू मोटुलो बुडू बुडू बुडलो
लांब लांब लंबू व्हडलो माड
मळबाक ताचे तेंकल्या हात

फू फू फुगडी कब्डी कब्डी कब्डी
लडामुडी लंगडी तिरकीट ताडीमाडी
आखो माखो तेल माखो हाय रे हाय
किरकीट बोलान लायली वाट

झाडार वयर वयर फुलांच्यो ताळयो
व्हटीभर फुलांखातीर पाटेंभर गाळयो
नीला, बेला, शीला धांव गो धांव
माना येता मारपाक जालो घात

धवळो आनी पोवळो बैलांची जोडी
बैलांचे गाडयेंत आमचे सवंगडी
विकतो घेतला आमी सगळो गांव
फारीक करूंक ना पयशे मात

30.
भं भं भोले !

आमच्या गांवचो पूत सायबा
शूर वीर जालो
नाचून खेळून आयज मनोवंया
आनंदाचो कालो
धायदिकांतल्यान आतां येतले
उजवाडाचे उले
भं भं भोले!

गांवांक आमच्या ना रे सायबा
आतां कसलो भंय
शूर पुतांची उबी रावतली
गांवां भोंवतणी वंय
काल आशिल्ले सडे पडंग
आयज जातले ओले
भं भं भोले!



पुंडलीक नारायण नायक

हांगेली

भुरग्यांखातीर बरपावळ

रानसुंदरी
एकांकी

आळशांक वाग खातलो
एकांकी

शिंवाचो बळी
एकांकी

गोंयचो पावस
निबंद

मनू
नवलिका

बेकार भोंवडेकार
नवलिका

गौरी आनी कल्परूख
बालकथा

छूम् छूम् घुंगरी
कविता-गीतां